*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**6 जानेवारीच्यान वस्तुसंग्रहालय सप्तक**

ता. 3 जानेवारी 2020

वस्तुसंग्रहालय खात्यावतीन ता. 6 ते 10 जानेवारी 2020 मेरेन वस्तुसंग्रहालय सप्तक मनोवपात येतलो. ता. 9 जानेवारी 2020 दिसा सांजेची 3.00 ते 5.00 ह्या वेळेत फुलांहार आनी फांती तयार करपाची सर्त आयोजीत करतले. सर्तीच्या जैतवंतांक त्याच दिसा इनामां भेटयतले. नावनोंदणी खातीर 2436006 वा 2434406 ह्या फोन नंबरावयल्यान संपर्क करचो.

सर्तक दोनीय सर्तीनी वाटो घेवपाक शकता. सर्तकांनी फुलांहार आनी फांती घरा तयार करून सर्तीच्या दिसा दनपारा 3.00 वरांचेर घेवन येवपाक जाय. फकत पयली नोंदणी केल्ल्या सर्तकांच्योच प्रवेशिका स्विकारतले. थळार प्रवेशिका स्विकारचे ना. फुलांहाराची लांबाय 2 फुट आनी फांतयेची लांबाय12 इंच आसपाक जाय. फकत सैमिक फुलांचो वापर करपाक मेळटलो. परिक्षकांचो निर्णय अंतिम आसतलो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/16

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA